२४-०२-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुखेलमंत्री

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केरळांतल्या तरेकवार शारांक भेट दिवन कोंकणी भाशिकां कडेन संवाद सादलो. कोंकणी भाशे खातीर वावर केल्ले पद्मश्री पुरस्कार जैतिवंत नारायण पुरूषोत्तम मल्ल्या हांची तांणी भेट घेतली. मंदिरांक भेट दिवपा सयत सेवा भावी संस्थांक लेगीत तांणी भेट दिली.

कोंकणी साहित्यीक नारायण पुरूषोत्तम मल्ल्या हांणी कोंकणी भाशे खातीर व्हड योगदान दिलां. कोंकणींत बरींच पुस्तकां बरयिल्ल्या नारायण मल्ल्या हांकां 2005 वर्साचो कोंकणी भाशा प्रचार सभेचो पितामह हो भोवमान फावो जाला.

कोची हांगा मुखेलमंत्र्यांनी अप्पू भट, विनायक पंडीत आनी रंगा भट्ट हांच्या यादस्तीकाक भेट दिवन तांकां आर्गां ओंपली. 17व्या शेंकड्यांत ह्या तिगां शास्त्रज्ञांनी 700 प्राण्यांची चित्रां काडिल्लीं. देवनागरी कोंकणींतल्यान ह्या तिगांनी संशोधन बरोवन काडलां.

एर्नाकुलम हांगा अनुग्रह चॅरेटेबल ट्रस्टान वार्तालापाची कार्यावळ आयोजीत केल्ली. कोंकणी भाशिकां कडेन मुख्यमंत्र्यांनी संवाद सादलो. हांगच्या कोंकणी भाशिकांनी कोंकणी संस्कृती जपपा सयत कोंकणींतल्यान साहित्य लेगीत तयार केलां. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या सगल्यांची तोखणाय केली.

तिरूमाला देवस्वोम गोशीपुरम देवूळ हे कोची हांगाचे गौड सारस्वत ब्राह्मण समाजाचें श्रद्धास्थान. ह्या देवळाक भेट दिवन मुखेलमंत्र्यांनी दर्शन घेतलें.

एर्नाकुलम हांगा अनुग्रह चॅरिटेबल ट्रस्ट हे बायलां खातीर निवाराथळ चलोपा सयत बरोच सामाजीक वावर करता. ह्या ट्रस्टाक भेट दिवन मुखेलमंत्र्यांनी तांच्या वावराची म्हायती घेतली. प्रधधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची मन की बात

कार्यावळ मुख्यमंत्र्यांनी कोंकणी उलोवपी लोकां सयत आयकली. एर्नाकुलम हांगा तिरूमाला देवळांत तांणी देवाचें दर्शन घेतलें. 17 व्या शेंकड्यात गोंयच्यान बऱ्याच लोकांनी केरळांत स्थलांतर केलें. कोची, एर्नाकुलम हांगा बरेच कोंकणी उलोवपी लोक आसात. तांच्यो भेटीगांठी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी घेतल्यो.
पावस - ४०

सत्तरी आनी दिवचल वाठारांत काल आडवेळो पावस पडलो. फाटल्या काय दिसा सांवन राज्यात तापमान सामान्यपरस चड आसा. गोंय वेदशाळेन काल सकाळी राज्यातले किमान तापमान २५.६ अंश सेल्सिअस इतले नोंद केल्ले सामान्य तापमानापरस ते ४.८ अंश इतले चड आशिल्ले.

**<u>अर्थसंकल्प 155</u>**

गोंयचे आठवे विधानसभेचें णववें अधिवेशन 24 मार्चा सावन सुरू जातलें. राज्यपाल श्रीधरन पिल्ले हांणी हे संबंदीची अधिसुचोवणी जारी केल्या. विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 24, 25 आनी 26 मार्च अशें तीन दीस चलतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 26 मार्चाक 2025- 2026 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले.

अर्थसंकल्पाक आतां फकत एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन अर्थसंकल्पाची तयारी नेटान सुरू आसा. आतां मेरेन ८० टक्के खात्यांच्यो बसका पुराय जाल्यात. खात्याच्या मंत्र्यांक आढावो सादर केले उपरांत मुख्यमंत्री अर्थसंकल्पांतले तरतुदींचो आढावो घेतले. खातें मुखेलीं कडल्यान ही म्हायती

मेळ्ळी.
अधिवेशन २४ मार्च ते २६ मार्च ह्या काळांत जातलें. अर्थसंकल्पाची तारीख निश्चीत जरी नासली तरी तो २६ मार्चाक सादर जावपाची शक्यता आसा. अर्थसंकल्पाक आतां एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन आता निमाणो

आढावो घेतले.अर्थ खात्या वतीन विवीध खात्यांच्यो ८० टक्के बसका पुराय केल्यात. गोवा चेंबर, लघु उद्येग संघटना, टीटीएजी, बार ऍन्ड रेस्टॉरंट ह्या संघटनांच्या प्रतिनिधीं वांगडा आतां मुख्यमंत्री बसका घेतले. ह्यो संघटना मागण्यांचें निवेदने मुख्यमंत्र्यांक सादर करतल्यो.
केंद्रीय अर्थसंकल्प फेब्रुवारींत सादर केला.

**वास्को: कोंकणी चित्रपट महोत्सव 120**

वास्कोच्या रवींद्र भवनान कोंकणी चित्रपट महोत्सवा खाला तीन कोंकणी चित्रपटांचें आयोजन केलां. हो महोत्सव २४ ते २६ फेब्रुवारीक जातलो. हो चित्रपट महोत्सव सगळ्यां खातीर मुफत आशिल्ल्याची रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हांणी दिली.
ह्या वेळार उपाध्यक्ष डॉ. धर्मेंद्र प्रभुदेसाय, सदस्य शांताराम पराडकार, रवळनाथ पेडणेंकार, अंकुश च्यारी, दामू कोचरेकार, सदानंद घोणसेकार, दिलीप काजळे तशेंच प्रवेश आमोणकार, रवींद्र भवनाचे अधिकारी बरेश नायक हजर आशिल्ले.
ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हांचे हस्तकीं जातलें. २४ फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर दिग्दर्शक निहाल च्यारी हांचो ’आदेस’ आनी ‘सवंग’ हे दोन कोंकणी शॉर्ट फिल्म दाखयतले. ताचे पयलीं ‘श्री गजानन गणाराया’ आनी ‘श्री दामोदर म्हजा देवा’ ह्या दोन म्युझीक व्हिडिओचें सादरीकरण जातलें. २५ फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर ‘काजरो’. जाल्यार २६ दिसा ‘पेद्रू पोदेर’ हें कोंकणी फिचर फिल्म दाखयतले.